राष्ट्रीय खबरो

Date : 21/05/2025 6.30 PM

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां अमृत भारत स्टेशन येवजणे खाला 18 राज्यांनी आनी केंद्र शाशीत प्रदेशांनी 103 पुनर्विकसीत केल्ल्या रेल्वे स्टेशनांचें उक्तावण करतले. ह्या रेल्वे स्टेशनांनी आधुनीक वेटिंग रुम, शौचालय, आलाशिरो हांचो आस्पाव जाता. हाचे भायर ह्या रेल्वे स्टेशनांर वेगवेगल्या सुविधाचो आसपाव आसा.

उपराष्ट्रपती जगदीप धनखड हाणी गोंय भेटेवेळार आयज मुरगाव बंदरांतल्या महत्त्वाच्या प्रकल्पांचे उक्तावण करून ते प्रकल्प देशाक समर्पित केलें. मुरगाव बंदर भारताच्या दर्यावेल्या बळग्याचें प्रतीक आसा अशें ताणी म्हळा. मोर्मुगांव बंदर हे भारतांतलें लोखण निर्गत करपी मुखेल बंदर आसा. मुरगाव बंदरांची गोंयचे अर्थवेवस्थेंत म्हत्वाची भुमिका आसा आनी भारताच्या वेपार आनी उद्देगीक उदरगतींत मोलादीक योगदान दित आसा अशें तांणी सांगलें. ह्या नव्यान बंदिल्या मुळाव्या साधनसुविधांक लागून अर्थीक उदरगतीक चालना मेळटली. अमृत काल व्हिजन 2047 खाला संवसारीक पांवड्यावेलीं बंदरां बांदपाचो सरकाराचो हेत आसा, जाका लागून भारताची निळी अर्थवेवस्था घटमूट जातली आनी टिकावू उदरगत सुनिश्चीत जातली अशे ताणी मुखार सांगले.

दर्यावेल्या सुरक्षविशी म्हायती दितान ताणी विकसीत जावपी भूराजनीतीक आव्हानां मदीं दर्या नेमाचेर आदारिल्ली पद्दत चालीक लावपाचें म्हत्वचेर भर दितना उपराष्ट्रपतीनी म्हळे (बाइट्स ) . उपराष्ट्रपती जगदीप धनखड हाणी भारतीय तटरक्षक दळाच्या समर्पण, धैर्य आनी सेवेची आपल्या उलोवपा तल्यान तोखणाय केली.

संयुक्त राश्ट्रांतले भारताचे कायम प्रतिनिधी पी.हरीश हांणी आतंकवादाक आळाबांद हाडप आनी दर्यावेल्या सुरक्षा सुनिश्चीत करप हें भारताचे राश्ट्रीय सुरक्षा आनी अर्थीक हिताचे नदरेन म्हत्वाचें आसा अशें सुरक्षा मंडळाक सांगलें. दर्यावेल्या सुरक्षेचेर जाल्ले चर्चेंत उलयतना ताणी भारताच्या व्यापक दर्यावेल्या धोरणाची रुपरेशा मांडली, जी राज्यांतल्यान येवपी धोक्यांक आनी आतंकवाद, तस्करी आनी बेकायदेशीर नुस्तेंमारी अशा अपारंपारीक आव्हानांक तोंड दितात .

सगळ्या देशांक ऑपरेशन सिंदूर विशीं म्हायती दिवपाच्या आनी पाकिस्तान प्रायोजीत आतंकवाद संवसारा मुखार उक्ते करपाच्या भारताच्या रणनितीचो एक भाग म्हूण जनता दलाचे खासदार संजय झा हांच्या फुडारपणा खाला सर्वपक्षीय शिश्टमंडळ आयज पांच देशांच्या भोंवडे खातीर भायर सरलें. हे शिष्टमंडळ इंडोनेशिया, मलेशिया, कोरिया, जपान आनी सिंगापूर ह्या देशांक भेट दितलें.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज आदले प्रधानमंत्री राजीव गांधी हांका तांच्या पुण् निमतान आरगा ओपल्यात

मिझोराम हे भारतातले पयले पूराय साक्षर राज्य म्हूण घोषित केला. हो एक इतिहासिक खीण जावन आसा. केंद्रीय शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हाणी हया कामगिरीखांतिर मिझोरामच्या लोकांक परबी भेटयल्या. राज्याच्या शीक्षणिक प्रवासातलो हो एक म्हत्वाचो आनि अभिमान दिसपा सारको पांवडो आसा आनी देशाखांतिर लेगित हो अभिमानाचो खीण आसा अशे सोशीयल मेडियाचेर केल्या पोस्टात ताणी म्हळा .

कर्मचारी भविष्य निधी संघटणेन अंनू  मार्च म्हयन्यांत 14 लाखां परस चड नवे वांगडी जोडल्यात..मार्चांत सुमार सात लाख 54 हजार नवे वांगडी ईपीएफओ कडेन नोंद जाल्ल्याची म्हायती कामगार आनी रोजगार मंत्रालयान दिल्या. 18-25 वर्सां पिरायेचे सुमार चार लाख 45 हजार नवे वांगडी जोडले अशें मंत्रालयान सांगलां. तशेंच, दोन लाखां परस चड नव्या बायल वांगडीय ईपीएफओंत सामील जाले .   जाल्या.

छत्तीसगढांतल्या नारायणपूर, बीजापूर आनी दांतेवाडा वाठारांनी सुरक्षा दळां वांगडा जाल्ले चकमकींत वीस परस चड माओवाद्याक मरण आयलें. हातूंत कांय कुख्यात माओवाद्याचो आस्पाव  आसा. छत्तीसगढाचे उपमुख्यमंत्री विजय शर्मा हांणी हया चकमकीत एक जवान शहीद जालो जाळ्यार दुसरो जखमी जाल्ल्याची म्हायती दिल्या.

भारतीय हवामान खात्यान  आयज कर्नाटकात उटागराचो पावस पडपांचो अदमास उक्तायला. तशेंच फुडल्या 2 दिसांत आसाम, मेघालय कोंकण, गोंय आनी महाराष्ट्रांतल्या काय वाठारांनी चड पावसाखातीर रेड अलर्ट जारी केला. 26 मे मेरेन उत्तराखंड, पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ, आनी उत्तर प्रदेशांत चड पावस पडपाची शक्यताय imd  उक्तायला

भारताच्या एच.एस. प्रणॉय आणि किदाम्बी श्रीकांत हांणी मलेशिया मास्टर्स बॅडमिंटन सर्तीच्या दुसऱ्या फेरयेंत पावल घातला .

आनी

IPL T20 क्रिकेट सर्तीत आयज सांजे 7:30 वरांचेर मुंबईच्या वानखेडे मैदानार  मुंबई इंडियन्स आन दिल्ली कॅपिटल्स  पंगडामंदी खेळ जातलो.

इतल्यान हया राष्ट्रीय खबरो सोपल्या. आमचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर